**मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकीं फाउंडेशनल स्टेज- I चो शिक्षणीक व्हिडिओ लाँच**

ता. 15 मार्च 2024

मुख्यमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी आयज पर्वरे मंत्रालयात फाउंडेशनल स्टेज- I ह्या मुळाव्या टप्प्याचेर केंद्रीत शिक्षणीक व्हिडिओ लाँच केलो. ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्र्यान हो व्हिडिओ विशेश करून शिक्षकांखातीर डिझाइन केल्ल्याचे सांगलें. शिक्षकांक हो व्हिडिओ प्रशिक्षणात मदत करतलो. शिक्षणाच्या मुळाव्या अभ्यासक्रमात विद्यार्थ्यांक "पंचज्ञानेंद्र" ही संकल्पना शिकोवप हो ह्या उपक्रमाचो उद्देश आसा.

व्हिडिओ विशीं म्हायती दितना शिक्षण संचालक श्री. शैलेश सिनाय झिंगडे हांणी विद्यार्थ्यांक सर्जनशील शिक्षण दिवप हो फाऊंडेशनल स्टेज I ह्या शिक्षणीक व्हिडिओचो उद्देश आशिल्ल्याचे सांगलें. ह्या उपक्रमाचो विस्तार करून 100 व्हिडिओं तयार करपाचे शिक्षण संचालनालयाचे उद्दिश्ट आसा आनी राज्यांतल्या विवीध सरकारी शाळांतले शिक्षक आनी विद्यार्थ्यांच्या सहकार्यान तयार केला, अशें तांणी सांगलें.

ह्या वेळार मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आनी महसूल मंत्री श्री. आतानासियो मोन्सेरात हांच्या उपस्थितीत शिक्षण संचालनालय आनी TCS iON हांच्यामदी कुशळटाय विकास उपक्रमाखातीर समजीकाय कबलात जाली.

ह्या वेळार शिक्षण सचीव श्री प्रसाद लोलयेकर, TCS iON चे प्रतिनिधी श्री हर्ष नागपाल आनी श्री. चंद्रमौली बी, SCERT सहाय्यक प्राध्यापक डॉ. रसेल डिसोझा, राज्य कार्यक्रम समन्वयक श्री पॉल फर्नांडिस आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/190

-----------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.